**मुख्यमंत्र्यान डॉ. टी. बी. कुन्हा हांच्या उगडासाक आर्गां ओंपलीं**

ता. 26 सप्टेंबर 2024

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज पणजेच्या आझाद मैदानाचेर आयोजीत कार्यक्रमात गोंय मुक्ती चळवळीचे जनक सर्गेस्त डॉ. टी.बी. कुन्हा हांच्या उगडासाक आर्गां ओंपलीं. सर्गेस्त डॉ. टी.बी. कुन्हा हांच्या पुण्यतिथी दिसा आयोजीत कार्यक्रमात मुख्यमंत्र्यान हेर मानेस्तांसयत गोंयच्या म्हान फुडाऱ्याक पुष्पांजली ओंपलीं.

सर्गेस्त डॉ. टी.बी. कुन्हा हांणी गोंय मुक्ती चळवळी खातीर भरपूर योगदान दिल्ले आसून तांच्या गोंय मुक्ती चळवळीतल्या योगदानाची तशेंच गोंय मुक्ती चळवळीची आयच्या पिळगेक जाणीव करून दिवपाची गरज आशिल्ल्याचें मुख्यमंत्र्यान ह्या वेळार सागलें.

वीज मंत्री श्री. सुदीन ढवळीकर, मुख्य सचीव श्री. पुनीत कुमार गोयल, प्रधान वित्त सचीव डॉ. व्ही. कंदवेलू, डीजीपी आलोक कुमार, गोंय, दमण दीव स्वातंत्र्य सैनिक संघटनेचे अध्यक्ष श्री. रोहिदास नाईक देसाय आनी हेर मानेस्तांनीय सर्गेस्त डॉ. कुन्हा हांच्या उगडासाक आर्गां ओंपलीं

पुलीस बॅण्ड पंगडान लास्ट पोस्टची धून वाजोवन मानवंदना दिली.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/517

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.